# <u>घुंवळी वखदां विरोधी दिसानिमतान धावपाची सर्त</u>

ता. 18 जून 2018
28 जेष्ठ 1940.

गोंय पुलीस खात्याच्या घुंवळी वखदां विरोधी विभागान आंतरराष्ट्रीय घुंवळी वखदां विरोधी दिसानिमतान ता. 24 जून 2018 दिसा युवक, विद्यार्थी आनी लोकांमधी घुंवळी वखदांच्या वायट परिणामाविशी जागृती करपाखातीर धावपाच्या सर्तीचे आयोजन केला. डॉ. श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियम, ताळगांव पठार ते दोनापावला सर्कल, मिरामार, फेरी धक्का, पणजी अशी 10 किलोमिटर धावपाची सर्त आयोजित केल्या. सकाळी 7.00 वरांचेर सर्तीक सुरवात जातली. नोंदणी शुल्क आकारचे नात. 16 वर्सा पिरायेवल्या चले-चलयांक सर्तीत सहभागी जावपाक मेळतले.

पयली नोंदणी करपी एक हजार स्पर्धकांक फुकट टी-शर्ट दितले. तशेंच 10 किलो मिटर धावपाची सर्त पूर्ण करपी पयल्या तीन स्पर्धकाक अनुक्रमे रू. 10,000/-,रू. 6000/- आनी रू. 4000/- चे रोख इनाम आनी प्रशस्तीपत्रां भेटयतले.